आकाशवाणी पणजीच्या
राष्ट्रीय खबरो

4th June 2026 6.30 p.m.

## PM- Venezuela

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत व्हॅनेझुएलाच्यो प्रभारी राष्ट्रपती डेल्सी रॉड्रिगीसा हांचे कडेन व्यापक चर्चा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां की, फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय वर्णपटाचेर नियाळ घेतलो आनी उर्जा, वेपार, गुंतवणूक, भलायकी, मोटारी आनी हेर मळार सहकार्याचे नवे मार्ग सोदून काडले. तशेंच फुडाऱ्यांनी परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या जागतीक आनी प्रादेशिक प्रस्नांचेरय मतां मांडली. दोनूय वटांनी द्विपक्षीय भागीदारी खोलायेन वाडोवपाची आनी जागतीक दक्षिणाचे हितसंबंद मुखार व्हरपाची वचनबद्धताय परतून दाखयल्या अशें मंत्रालयान नदरेक हाडलां.

## S Jaishankar – Venezuela

विदेशी वेवहार मंत्री मंत्री एस जयशंकर हांणी आयज सकाळीं नवी दिल्लींत व्हॅनेझुएलाच्यो प्रभारी राष्ट्रपती डेल्सी रॉड्रिगीसा कडेन संपर्क सादलो. भारत - व्हॅनेझुएला संबंदा कडेन बऱ्याच काळासावन आशिल्ल्या वचनबद्धतेक भारत म्हत्व दिता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन जाल्ले बसकेक लागून दोनूय राश्ट्रां मदलो सहकार आनीक घटमूट जातलो अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी सांगलें

## World Yoga Championship

संवसारीक योगासना खेळां सर्तीची पयली आवृत्ती आयज गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत सुरु जाता. पांच दिसांच्या ह्या सर्तींत 70 परस चड देशांतले 500 वयर खेळगडे वांटेकार जातले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आभासी माध्यमा वरवी ह्या सुवाळ्याक हाजीर आसतले

## PM- Gujrat Daman

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां गुजरात आनी दमनाक भेट दितले. रस्तो, वीज आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्यान, सुरातांत 18 हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे बुन्यादी फातर ते हे भेटीवेळार घालताले. तशेंच सुरतांत 200 खाटींच्या ईएसआयसी हॉस्पिटलाचें उक्तावण करतले.

## President Murmu

भारत आनी लाओ लोकशाय प्रजासत्ताक हांचे लागींचे संस्कृतायेचे संबंद आसात, ते बौध्द धर्म आनी रामायणाच्या दायजांतल्यान दिसून येता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. अंदूं दोनूय राश्ट्रां मदी राजनयिक संबंद स्थापन जाल्ल्याची 70 वर्सां पुराय जाता.काल राष्ट्रपती भवनांत लाओ पीडीआरचो उपप्रधानमंत्री आनी परराश्ट्र मंत्री हांकां येवकार दितना राष्ट्रपती मुर्मून ऑक्टोबर 2024 वर्सा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ASEAN संबंदीत शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर लाओ पीडीआराक भेट दिल्ल्याची नोंद घेतली. हे भेटी वेळार जायत्यो कबलाती जावन दोनूय राश्ट्रांच्या सहकार्याक नवी गती मेळळी.

## ROBOTIC – TELESURGERY

भारतीय मूळचो हृदयरोग तज्ञ डॉ.सुधीर श्रीवास्तव हाणें मेड इन इंडिया सर्जिकल रोबोटीक सिस्टीम तंत्रज्ञान वापरून गियानासावन, भारतांत रोबोटीक टेलीशस्त्रक्रिया करून संवसारीक विक्रम केला. संवसारांतल्या सगळ्यांत लांब अंतराचेर जावपी रोबॉट कार्डियक टेलीसर्जरी वैजकी नवनिर्माणांत नवो जागतीक मापदंड थारायता. गियानाच्या Georgetown Public Hospital आनी इंदौरांतल्या IRCAD इंडिया हांचे मदीं पयसुल्ल्यान ही टेली-शस्त्रक्रिया जाल्ली

## Gujarat Bangladesh Migrants

राज्यात बेकायदेशीर रीतीं रावपी बांगलादेशी नागरिकांचेर गुजरात पुलिसांनी खार कारवाई सुरु केल्या. ऑपेरेशन डेल्टा खाला फाटल्या २४ व्रणी गुजरातांत बेकायदेशीर रीतीं रावपी ४२४ बांगलादेशी नागरिकांक अटक जाल्या . जाल्यार सध्या ७८२ पारस चाड डुबवित व्यक्तींचेर चवकशी सुरु असा

## Digital Drive to Clear National Highway Encroachments

भारतीय राश्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणान, राष्ट्रीय म्हामार्गांचेर जावपी बेकायदेशीर अतिक्रमण पयस करपा खातीर आनी रस्त्यांची सुरक्षीतताय वाडोवपा खातीर नागरिक केंद्रीत मोहीम सुरू केल्या. आतां नागरिकांक राजमार्ग्यत्र मोबायल ॲपा वरवीं जिओ टॅग केल्ले फोटो अपलोड करून अनधिकृत बांदकाम, रस्त्या कुशीचे विक्रेते, आनी हेर आडमेळींची म्हायती दिवंक मेळटली. प्रणाली तात्काळ पावती दिता आनी वेळापत्रकाचेर कारवाय करपा खातीर कागाळींचो मागो घेता. तशेंच अतिक्रमणाची म्हायती दिवपा खातीर 1033 ही टोल फ्री हेल्पलायन उपलब्ध केल्या.

## My Bharat

मेरा युवा भारत म्हाळयारूच (MY Bharat) डिजिटल प्लॅटफॉर्म हांकां गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्डान अधिकृतपणान मान्यताय दिल्या, विकसित भारत तरणाटे फुडारी संवाद 2026 प्रश्नमाची वरवीं एका सप्तकांत चडानं चाड लोकांनी ऑनलायन प्रसनमाचयेन वांटो घेतलो. आनी 3 लाख 90 हजारां वयर भाग घेवप्यांनी क्विझ पुराय केल्|. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या सुवाळ्यांत केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ मंसुख मांडवीया हांकां हें प्रमाणपत्र मेळ्ळें.

## UPSC Face Authentication

परिक्षा प्रक्रियेची एकात्मता वाडोवपाच्या आनी तोतयेगिरी आडावपाच्या यत्नांत संघ भौशीक सेवा आयोगान फेस ऑथेंटिकेशन प्रोटोकॉल तयार केला. हालींच जाल्ले नागरी सेवा आनी भारतीय रान सेवा, (प्राथमिक) परिक्षेंत, 2026 वर्सा आयोगान मुखामळ प्रमाणीकरण यशस्वीपणान चालीक लायलें.

## Weather

आयज केरळांत नैऋत्य पावसाळ्यान प्रवेश केलो. भारतीय हवामान खात्या प्रमाण केरळांत पावसाची सामान्य सुरवातीची तारिक १ जुन आशिल्ल्यान पावसाळ्याक ३ दिसांचो कळावं जाला